**आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय कार्यक्रमाची फाल्य 1 ऑक्टोबराक सुरूवात**

ता. 30 सप्टेंबर 2020

राज्यांतल्या ग्रामपंचायती खातीर आर्थिक पुनर्जीवन येवजणेखाला आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय कार्यक्रमाखातीर सरकारान कृती आराखडो तयार केला. ता. 1 ऑक्टोबर 2020 दिसा सकाळी 11.00 वरांचेर मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं ह्या कार्यक्रमाची व्हर्च्युअली सुरूवात जातली.

आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय कार्यक्रमाखाला उच्च शिक्षण संचालनालय आनी गोंय भौशिक प्रशासन आनी ग्रामिण विकास संस्थेन ग्रामपंचायती खातीर आर्थिक पुनर्जीवन अभ्यास सर्वेक्षण केला. ह्या कार्यक्रमाखाला राज्यांतल्या सगळ्यां 191 पंचायतींचो तपशील एकठांय करपा खातीर 25 महाविद्‌यालयांक आस्पावन घेतिल्ले. उच्च शिक्षण संचालनालय, गोंय भौशिक प्रशासन आनी ग्रामीण विकास संस्था आनी महाविद्‌यालयांच्या केंद्रीय समितीन कृती आराखडो तयार केला. कृती आराखड्‌यात शेती, गोरवां सांबाळ, युवक, ज्येश्ट नागरिक, बायलां आनी आप मजत गट, पर्यटन, नुस्तेमारी, सैमिक साधनसंपत्ती आनी हेर येजणांचो आसपाव आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/510

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA